**फोंडेच्या इतिहासीक क्रांती मैदानाचेर प्रजासत्ताक दीस मनयलो**

ता. 26 जानेवारी 2025

भारत देशाच्या स्वातंत्र्या खातीर म्हान फुडारी आनी स्वातंत्र्य सैनिकांनी केल्लो संघर्श आनी त्यागाक लागून आयज आमी आमच्या देशाची उदरगत करपाक शकले. आयज देशान प्रत्येक मळार तोखणाय करपा सारखी उदरगत केल्ली आसा. संवसारीक मळार भारत देशाचो मानसन्मान वाडिल्लो आसा, अशें कृशी मंत्री श्री रवी नाईक हांणी सांगलें.

कृशी मंत्री श्री रवी नाईक आयज फोंडेच्या क्रांती मैदानार आयोजीत प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयले उपरांत उलयताले.

आयज पुराय देशांत प्रजासत्ताक दीस व्हडा उमेदीन मनयतात. 26 जानेवारी 1950 दिसा देशाचे संविधान अमलांत आयले. देशाच्या संविधानान प्रत्येक नागरिकाच्या कल्याणाची आनी विकासाची खात्री दिल्ली आसा. प्रत्येकांक समान हक्क दिल्ले आसा आनी अभिमानान जीण जगपाचो अधिकार आसा. संविधानान दिल्ल्या हक्कांक लागून आयज आमी शांतीकायेन जगतात, अशें श्री. नाईक हांणी म्हणलें.

प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला केंद्र सरकार देशाच्या विकासा खातीर नेटान प्रयत्न करता. आयज गोंय राज्यान लेगीत विकासाच्या प्रत्येक मळार उत्कृश्ट प्रगती केल्ली आसा. लोकांनी शांतीकाय आनी सलोखो राखून राज्याच्या उदरगती खातीर सरकाराक सहकार्य करपाची गरज आसा,अशें श्री. नाईक हांणी सांगलें.

सुरूवातीक कृशीमंत्र्यांन क्रांती मैदानावयल्या हुतात्मा स्मारकाक फुलाहार अर्पण करून आदरांजली ओपली. श्री नाईक हांणी राष्ट्रीय तिरंगो हुबयले उपरांत पुलीस पंगडाच्या संचलनाची पळोवणी करून मानवंदना दिली.

ह्या वेळार फोंडा वाठारांतल्या विविध शाळांच्या विद्यार्थ्यांनी देशभक्तीचेर गीतां सादर केली.

कार्यक्रमाक फोंडा नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष श्री आनंद नाईक, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री विशाल कुंडईकर, उपजिल्हाधिकारी श्री शुभम नाईक, डीवायएसपी श्री शिवराम वायंगणकर, 6 टीटीआर चे कमांडिंग ऑफिसर, स्वातंत्र्य सैनिक, सरकारी अधिकारी, शिक्षक, विद्यार्थी आनी नागरीक उपस्थित आशिल्लें.

श्री. गिरीश वेळगेकर हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/98

--
-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.